आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

07th July 2025 सकाळी – 8.40

मुखेल खबरो

- भारतान त्रिनिदाद आनी टोबैगोकडेन मुळावी बांदावळ आनी वखदां सयत, जायत्या क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपा खातीर, स समजिकायेच्या कबलातींचेर सयो केल्यात.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या तिसऱ्या पावड्यार, आयज सकाळीं, आर्जेन्टिनाची राजधानी बेउ-नोस आयरेसांत पावले.

- भारत वेपारी करारांचेर, स्वताच्या नेमा प्रमाण चर्चा करता आनी वेळेचेर आदारून वेपारी कबलात करिना, अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.

- संवसारीक जैतिवंत गुकेश डोम्माराजू हाणें, क्रोएशियाच्या ग्रँड बुध्दिबळ सर्तीत, रॅपिड खिताब जिखलो.

PM त्रिनिदाद - 150

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल सांजे पोर्ट ऑफ स्पेनांतल्या, रेड हाऊसांत त्रिनिदाद आनी टोबैगोचे तांचे समकक्ष कमला पेरसाद-बिसेसर हांचे कडेन, खोलायेन उलोवणी केली. उलोवपा उपरांत, दोनूय देशांनी मुळावी बांदावळ आनी वखदां सयत, जायत्या क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपा खातीर, स समजिकायेच्या कबलातींचेर सयो केल्यात.

उपरांत सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि दोनूय देशांनी अर्थीक संबंद खोलायेन वाडोवपाक आनी आपत्ती वेवस्थापन, हवामान बदल, संरक्षण, तंत्रगिन्यान, भलायकी आनी शेतकी संशोधन ह्या मळार सहकार्य वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. तशेंच आतंकवादा आड संवसारीक लढो घटमूट करपाची आपली वचनबद्धताय, तांणी परतून दाखयली. भारत-कॅरिकॉम संबंद मुखार व्हरपा खातीर, भारताची वचनबद्धताय मोदी हांणी स्पष्ट केली.

तशेंच पोर्ट ऑफ स्पेनांतल्या राष्ट्रपती भवनात, प्रधानमंत्री मोदी हांणी त्रिनिदाद आनी टोबॅगोचे राष्ट्राध्यक्ष क्रिस्टीन कार्लो कंगालू हांची भेट घेतली. परराश्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां, कि दक्षिणेक संवसारीक भागीदारी वाडोवपा खातीर, कॅरिबियन राष्ट्राक आनी कॅरि-कॉमाक भारताचो आदार आसा, अशें मोदी हांणी सांगलें. ताचे आदीं प्रधानमंत्री मोदी हांणी, त्रिनिदाद आनी टोबॅगो संसदेच्या संयुक्त अधिवेशनांत, उलोवप केलें.

पीएम आर्जेन्टिना -

ग्लोबल साउथ कडेन भारताचे संबंद घटमूट करपाचो हेत आशिल्ल्या, पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या तिसऱ्या पावड्यार, त्रिनिदाद आनी टोबॅगोक आपली यशस्वी भेट सोंपयल्या उपरांत, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं, आर्जेन्टिनाची राजधानी बेउ-नोस आयरेसांत पावले. प्रधानमंत्री मोदी आयज सांजे आर्जेन्टिनाचे सुटके झुजारी आनी राश्ट्रीय नायक जनरल जोसेफ द सान मार्टीन हांच्या पुतळ्याचेर आर्गां ओपून, आर्जेन्टिना भेटीक सुरवात करतले. हाचे उपरांत, मोदी हांकां विधीपुर्वक येवकार दितले. उपरांत, प्रधानमंत्री प्रतिनिधी

मंडळ पावड्यार उलोवणी करतले. शारांतल्या क्लब बोका ज्युनियर्स फुटबॉल स्टेडियमाक प्रधानमंत्री भेट दिवपाचे आसात. तांचे हे भेटेक लागून रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट जातली आनी सहकार्याचे नवे मार्ग उक्ते जातले, अशी आस्त आसा.

गोयल -

भारत वेपारी करारांचेर, स्वताच्या नेमा प्रमाण चर्चा करता आनी केन्नाच वेळ रेखेचेर आदारून वेपारी कबलात करिना, अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. अमेरिकेकडेन जाल्ल्या वेपार करारा विशीं नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना मंत्री गोयल हांणी सांगलें, कि मुक्त वेपार करार तेन्नाच जाता, जेन्ना परस्पर फायदो जाता. वेपार करार पुराय परिपक्व जावन, राश्ट्रहितांखातीर आसतकच देशाक मान्य जाता, अशें तांणी सांगलें. यूएस, युरोप आनी न्यूझीलंड सयत वेगवेगळ्या देशां कडेन कबलातीखातीर वाटाघाटी सुरू आसात, अशेंय मंत्री गोयल हाणी सांगलें.

राष्ट्रपती -

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी काल नवी दिल्लींत, डुरंड कप 2025 सर्तीच्या ट्रॉफीचें अनावरण केलें. खेळांन शिस्त, निर्धार आनी संघटनात्मक भावना निर्माण जाता. तशेच लोकांक, धर्मांक, देशांक एकठांय हाडपाची खाशेली तांक खेळांत आसा, अशें तिने सांगलें. खेळ हें भारतांत राश्ट्रीय एकात्मतेची भावना निर्माण करपाचे एक बळिश्ट माध्यम जाला, अशेंय राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. हे वीशी तिणे मुखार म्हळा, कि

पीएम ब्राझील -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी ह्या म्हयन्याच्या 6 आनी 7 तारखेक, ब्राझीलांतल्या रिओ द जानैरु हांगा जावपी, ब्रिक्स शिखर सभेंत वांटो घेतले. उपरांत ब्राझीलियाक द्विपक्षीय भेट दितले. सुमार स दशकां उपरांत, भारतीय प्रधानमंत्रीची हि पयली भेट आसतली. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी ब्राझीलाचे राष्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासिओ लुला दा सिल्वा हांचे वांगडा, जायत्या जागतीक फुडाऱ्यां वांगडा शिखर सभेच्या फाटभुयेर उलोवणी करतले.

केरळ व्हीपी व्हिझिट

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर फाल्यां सावन, दोन दिसांच्या केरला भोंवडेर वतले. सोमारा उपराष्ट्रपती त्रिशूर जिल्ह्यांतल्या गुरू-वायूर देवळांत प्रार्थना करतले. उपरांत, ते कोच्चीच्या नॅशनल युनिव्हर्सिटी ऑफ ॲडव्हान्सड लीगल स्टडीज हांगाच्या विद्यार्थ्यां कडेन आनी प्राध्यापकांक संवाद सादपाचे आसात.

पीएम -

त्रिनिदाद आनी टोबॅगोंतल्या मूळ भारतीयांच्या सव्या पिळगेतल्या नागरिकांक, आतां ओव्हरसीज सिटीजन ऑफ इंडिया (ओसीआय) कार्डां मेळटलीं, जाका लागून तांकां भारतांत कसलेच निर्बंध नासतना रावपाक आनी काम करपाक मेळटलें, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी जाहीर केलें. काल त्रिनिदाद आनी टोबॅगोंत भारतीय समुदायाक मार्गदर्शन करतना ताणी सांगले, कि

Chess -
संवसारीक विजेतो गुकेश डोम्माराजू हाणें क्रोएशियाच्या झाग्रेबांत जावपी ग्रँड बुध्दिबळ भोंवडेच्या रॅपिड आनी ब्लिट्ज 2025 सर्तीच्या भागांत रॅपिड खिताब जिखला. 19 वर्सां पिरायेच्या ह्या भारतीय खेळगड्यान निमाण्या फेरयेंत अमेरिकेच्या वेस्ली सोकाक हारयलो . गुकेशान वेस्लीक 38 हालचालींनी हारयलो आनी रॅपिड विभागांत सातवो जैत मेळयलें.

क्रिकेट -
क्रिकेटांत, बार्मिंगहॅमच्या एज-बस्टन हांगा जाल्ले दुसरे कसोटी खेळाच्या तिसऱ्या दिसा, इंग्लंडा आड भारतान 244 धांवड्यांनी आघाडी घेतली. मजगती, बायलां क्रिकेटांत काल रातीं लंडनांतल्या ओव्हलांत, पांच मॅचींच्या खेळामाळेच्या तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत, यजमान इंग्लंडान, भारताक 5 धांवड्यांनी हारयलो.

हवामान -
भारतीय हवामान खात्यान आयज छत्तीसगढ, कर्नाटक, अस्तंत बंगाल, गुजरात, राजस्थान आनी हिमाचल प्रदेशात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश आनी उत्तराखंडात आयज अशीच परिस्थिती उरपाची शक्यताय आसा, अशे हवामान खात्यान सांगला. मजगतीं, आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, बिहार, अस्तंत बंगाल, झारखंड, ओडिशा, जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगित आनी मुजफ्फराबाद हांगा जगला आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड मारपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, फुडल्या सात दिसांत वायव्य, ईशान्य, अस्तंत, उदेंत, मध्य आनी दक्षिण व्दीपकल्प भारतात गडगड, वारें आनी जगला वांगडा पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयच्यान दिल्ली एनसीआरांत लेगीत गडगड, वारें आनी जगला सयत पावस पडटलो.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारतान त्रिनिदाद आनी टोबैगोकडेन मुळावी बांदावळ आनी वखदां सयत, जायत्या क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपा खातीर, स समजिकायेच्या कबलातींचेर सयो केल्यात.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पांच राश्ट्रांच्या भोंवडेच्या तिसऱ्या पावड्यार, आयज सकाळीं, आर्जेन्टिनाची राजधानी बेउ-नोस आयरेसांत पावले.

- भारत वेपारी करारांचेर, स्वताच्या नेमा प्रमाण चर्चा करता आनी वेळेचेर आदारून वेपारी कबलात करिना, अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.

- संवसारीक जैतिवंत गुकेश डोम्माराजू हाणें, क्रोएशियाच्या ग्रँड बुध्दिबळ सर्तीत, रॅपिड खिताब जिखलो.